Panaji Regional17th December 2025 7.25am

Electoral rolls – 80

गोंय राज्य वेंचणुक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान विशेश मतदांर वळेरी उजळणी मोहिमे (एसआयआर) वरवीं तयार केल्ली उत्तर गोंय जिल्ह्याची मतदांर वळेरी काल प्रसिध्द केली. उत्तर गोंय जिल्ह्याच्या मतदांर वळेरींत 5,08,385 मतदार आसून तातूंत 2,46,173 दादले मतदांर आनी 2,62,212 बायलां मतदारांचो आस्पाव आसा.

मतदार वळेरीविशीं कसलेय दावे वा आक्षेप आसल्यार ते 15 जानेवारी 2026 मेरेन स्विकारतले आनी 7 फेब्रुवारी 2026 मेरेन ते निकालांत काडटले. अंतीम वळेरी प्रसिध्द करपा खातीर 10 फेब्रुवारी 2026 मेरेन आयोगाची मंजूरी घेतले आनी 14 फेब्रुवारी 2026 दिसा अंतीम मतदार वळेरी प्रसिध्द करतले.

बर्च बाय रोमिओ लेन प्रकरण - 50

बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाक लागिल्ल्या उजो प्रकरणाची गोंयातल्या मुंबय उच्च न्यायालयान स्वेच्छा याचिका दाखल करून दखल घेतल्या. हे याचिकेत उच्च न्यायालयाक आवश्यक ती म्हायती दिवपा खातीर ॲड. रोहित ब्राझ डिसा हांची ॲमिकस क्युरी म्हूण नेमणूक केल्या. हे याचिकेचेर 8 जानेवारी 2026 दिसा फुडली सुनावणी जातली.

लुथरा दिल्ली 20

बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ आनी गौरव लुथरा हांका दिल्लीत गोंय पुलीसांनी ताब्यात घेतलां. बेगीनूच पुलीस दोगांकूय गोंयांत हाडटले.

मडगाव-मंगळूरू रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरणाचे काम हातात घेतले : संतोष कुमार झा - 130

प्रवासी आनी मालाची येरादारी वाडत आशिल्ल्यान रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करप गरजेचें आसा. सध्या कोंकण रेल्वेचो एकूच ट्रॅक आसा. कोंकण रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करपाचे काम म्हामंडळ हातात घेवपाचे आसा अशी म्हायती कोंकण रेल्वे म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हांणी काल मडगांवां जाल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली. जो मेरेन पर्यावरणाक आनी लोकांच्या जिणेच्या दर्ज्याक धोको ना तो मेरेन कोणेंच रेल्वेमार्ग दुपदरीकरणाक विरोध करचो न्हय. हे काम देशाचे उदरगतीखातीर जाता ते खातीर अशा वावराक येवकार दिवंक जाय. पूण आतां कोंकण रेल्वेक लागून जायतीं राज्यां आनी शारां एकामेकांक जोडिल्लीं आसात अशें झा हांणी फुडें सांगलें.
फाटल्या २८ वर्सांत कोंकण रेल्वे म्हामंडळाकडल्यान मोठ्या प्रमाणार उदरगतीची कामां जाल्यात

आनी फाटल्या तीन वर्सांत कोंकण रेल्वे म्हामंडळ फायद्यात चालू आसा अशी म्हायती कोंकण रेल्वेचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हांणी काल  दिली.

अधिवेशन 110

गोंय विधानसभेचे अधिवेशन १२ जानेवारी २०२६ ते १६ जानेवारी २०२६ अशे पांच दीस जातले.

गोंयचे राज्यपाल   पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी 12 जानेवारी 2026 दिसा सकाळीं 11.30 वरांचेर गोंय विधानसभा अधिवेशन आपयला. पयल्याच दिसा १२ तारखेर राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचें अभिभाशण जातलें. गोंय विधानसभेंत अभिभाशण करपाची राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांची ही पयलीच वेळ आसतली. अधिवेशनात शुक्रार, १६ जानेवारी हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो.  बर्च बाय रोमिओ लेन दुर्घटनेविशी अधिवेशनांतूय वादळी चर्चा अपेक्षीत आसा.आमदारांक २६ डिसेंबर २०२५ मेरेन प्रस्न सादर करचे पडटले. शुन्य प्रहर आनी लक्षवेधी सुचवणे खातीर त्याच दिसा सकाळीं १० वरां मेरेन ऑनलायन स्वरूपांत नोटीस दिवची पडटली. सविस्तर कार्यावळ कामकाज सल्लागार समितीचे बसकेंत थारतली.

INS Goa – 70

भारतीय नौदल आज गोंयच्या आयएनएस हंसा हांगा नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हांच्या उपस्थितींत, आपलें दुसरें MH-60R helicopter squadron, INAS 335 (Ospreys) कमिशन करतली. ह्या स्क्काड्रनाच्या आस्पावाक लागून भारतीय नौदलाची अभिन्न विमानन क्षमता वाडटली. प्रगत शस्त्रां, सेन्सर्स आनी एव्हियोनिक्स प्रणालींनी सज्ज आशिल्लें हें हेलिकॉप्टर भारतीय नौदला खातीर एक बहुमुखी आनी सक्षम संसाधन थारता, जे परंपरीक तशेंच असममित धोक्यांक तोंड दिवपाखातीर वाढीव क्षमता प्रदान करता.

Sports – 65

गोंय आनी चंदीगड हांचे मदली चार दिसांची कूच बेहार ट्रॉफी एलीट मॅच कालच्यान पर्वरीच्या जीसीए अकादमी मैदानावर सुरू जाली. चंदीगड पंगडान टॉस जिखून पयलीं गोंयाक बॅटींग करपाचें आमंत्रण दिलें. गोंयान पयल्या दिसा 90 ओव्हरींनी 7 विकेटी व्हगडावन 278 धांवड्यो केल्ये. एका वेळार गोंय पंगड बरे स्थितींत आशिल्ले. ताणें 4 विकेटी व्हगडावन 257 धांवड्यो केल्ल्यो. पूण, अखेरच्या एका वराच्या खेळांत ताणें तीन म्हत्वाच्यो विकेटी व्हगडायल्यो.